आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

प्रादेशिक खबरा

Date :04 /03/2025 7.20 pm

मुखेल खबरो

- शाश्वत आनी समावेशक उदरगती खातीर साधनसुविधाच्या कार्यक्षमतेचे वेवस्थापन करपाक जाय अशें राष्ट्रपति द्रौपदी मुर्मू हांणी म्हटला.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आत्मनिर्भर भारताची मोख घेवन सरकार वावुरता अशें सांगलें.
- गोंय मानव संसाधन विकास महामंडळ हे गोयकरांच्या सर्वांगीणउदर्गतीखातीर वावरपी एक महामंडळ आसा अशे मुखेलमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हाणी सांगले
- पणजी वेधशाळेंन उष्णतायेखातीरचो येल्लो अलर्ट जारी केला.

राष्ट्रपती 90

उदरगत टिकावू आनी समावेशक आसपा खातीर साधनसुविधा कार्यक्षमतेन आनी नितीन वेवस्थापन करपाक जाय अशें द्रौपदी मुर्मू हांणी रेखांकित केलां. राष्ट्रपती भवनांत आयज भारतीय महसूल सेवेच्या अधिकारी प्रशिक्षीतांक संबोधीत करतना राष्ट्रपती हांणी अशें सांगलें. देशांतली मुळावी बांदावळ वाडत आसा, डिजिटल जोडणी अंतर पयस करपाक लागल्या, अर्थीक संदी पयलीं परस चड सुलभ आसात अशें तिणें सांगलें. भारतीय महसूल सेवा अधिकाऱ्यांचें काम हें शासन आनी कल्याणा खातीर एक म्हत्वाचें काम अशें अध्यक्षान सांगलें. ही गरजेची साधनसुविधा नितळ, प्रभावी आनी पारदर्शक पद्दतीन एकठांय करपाची खात्री करपा खातीर भारतीय महसूल सेवा अधिकारी म्हत्वाची भुमिका करतले अशें तिणें सांगलें.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी 90

आत्मनिर्भर भारताची मोख घेवन सरकार वावुरता आनी सुदारणांची गती वाडयल्या अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज सांगलें. फाटल्या धा वर्सांत देशान सुदारणा, अर्थीक

शिस्त, पारदर्शकता, आनी समावेशकवाड हांचे खातीर आपणे वचनबद्धताय सातत्यान दाखयल्या अशें तांणी सांगलें. देशाच्या अर्थीक वाडांत एमएसएमईची परिवर्तनकारी भुमिका आसा आशे ताणी सांगलें. .देशांत वेवसाय करपाक सोंपें जावचें म्हणून घेतिल्ल्या वेगवेगळ्या उपायांचेर भर दितना श्री मोदी हांणी सांगलें, सरकारान जन विश्वास कायदो चालीक लायलो आनी पालन उणें करून सोंपे येणावळ कराची संकल्पना सुरू केली. अर्थसंकल्पांत उत्पादन आनी निर्यात वाडोवपा खातीर म्हत्वाचीं पावलां उबारल्यांत अशें तांणी मुखार सांगलें.

मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत

गोंय मानव संसाधन विकास महामंडळ हे गोयकरांच्या सर्वांगीणउदर्गतीखातीर वावरकरपी अशे एक महामंडळ आसा धा वर्साआधी जांच्यानी हे महामंडळ स्थापन केल ते देवळान आमचे खूप टीका जाली परत आयज धा वर्र्सा उपरांत पळयतना हेच महामंडळ गोंयांत बरे काम करीत असा आनी मुख्य मंत्री या नात्यान आपल्याक खूप अभिमान असा अशें मत मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हाणी उक्तायलें. गोंय मानव संसाधन विकास महामंडळ गोंय सरकार यांच्या साखळीच्या रवींद्र भवनात जाल्ल्या वर्सुकी दिसा निमतान आयोजित केल्लें कार्यावाळीत मुख्यमंत्री उलयताले. ह्या वेळार त्यांचे वांगडा गोवा मानव संसाधन विकास महामंडळाचे अध्यक्ष, दिवचलचें नगराध्यक्ष विजयकुमार नाटेकर, साखळी रवींद्र भवनचे उपाध्यक्ष श्री दत्ताराम चिमुलकर आनी हेरमानेस्त हजर आ सशिल्ले. आपल्या उलोपात मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हाणी मुखार सांगले की गोंय सरकार साधन सुविधांच्या बाबतीत त्याच प्रमाण मानवी उदरगतीचे बाबतीत महत्त्वपूर्ण वावर करीत असात आनी ताकाच लागून मुख्यमंत्री ह्या नात्यान गोयात जितली महामंडळाचा आसा त्या महामंडळातले गोवा मानव संसाधन विकास महामंडळ हे वैयक्तिक आपले सगळ्यात आवडटे अशे महामंडळाचा आसा

भारतीय नागरी सुरक्षा संहिता भारतीय न्याय संहिता आणि भारतीय साक्ष अधिनियम या तीन नव्या फौजदारी कायद्यांच्या प्रभावी अंमलबजावणे बाबतीत गाय एक आदर्श राज्य जातले हे खातील प्रयत्न करचे अशी सुचवणी केंद्रीय घर मंत्री अमित शहाणे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हाका दिली. नवी दिल्लीत झालेल्या बसकेत नव्या कायद्यातल्या पोलीस बदखण न्यायालया फौजदारी खटले चलोवप  ह्या संबंधित तजवीजेचे अंमलबजावणीचे नदरेन अमित शहा आणि डॉक्टर सावंत यांच्या कड ल्यान  नियाळ घेतलो . केंद्रीय घर

सचिव गोईचे मुख्य सचिव पोलीस महासंचालक आणि हेर अधिकारी ह्या  बसकेक हाजीर आशीले.

Jan 95

कुशळटाय उदरगत आनी उद्देजकता संचालनालयान मुखेलमंत्री कौशल्य पथ येवजणे खाला तासीका तत्वाचेर व्याख्याते पदां खातीर अर्ज मागयल्यात. गोंय सीएसआर प्राधिकरणाच्या सहकार्यान हांतूत १ हजार गोंयकार तरणाट्यांक खासा प्रशिक्षण मेळटलें. रोजगारक्षमताय आनी उद्देजक कुशळटाय वाडोवपाक ह्या उपक्रमाचो लाव जातलो. पात्र वेवसायीक आनी अणभव आशिल्ले उद्देजक लेगीत तासिका तत्त्वावेल्या व्याख्यातो पदा खातीर अर्ज करूंक शकतात. शिकोवपाचो अणभव आशिल्ल्या एमबीए पदवीधर व्याख्यात्यांक दर वराक २५० रुपया दितले, जाल्यार उद्देजकता प्रशिक्षणाक तज्ञ व्यक्तींक दर सत्रांक देड हजार रुपया मानधन मेळटले. इत्सूक उमेदवारांनी cmkps-dsde@goa.gov.in ह्या ईमेलाचेर ऑनलायन अर्ज करचे वा पणजेंतल्या डीएसडीई कार्यालयांत कागदोपत्री अर्ज सादर करचें अशें ह्या विशिंच्या खबरेंत म्हळां.

स्क्रेप यार्डा 80

प्रदुशण नियंत्रण मंडळाचो परवानो नाशिल्ल्यान नेसाय उद्देगीक वसणुकेंतल्या दोन स्क्रेप यार्डांचे वीज आनी उदकाची जोडणी काडून उडोवपाची कारवाय आयज सासश्टीचे मामेलदार विमोद दलाल हांणी केली. प्रदुशण नियंत्रण मंडळान ह्या दोनूय स्क्रेपयार्डांक प्रदुशण नियंत्रण मंडळा कडल्यान संचालन परवानो नाशिल्ल्यान तांकां सील करपाचो आदेश हाचे पयलीं दिल्लो.

आयज मामेलदार कार्यालयांतले अधिकारी कारवाय करपाक गेले तेन्ना ह्या दोनूय स्क्रेप यार्डांत व्हड प्रमाणांत माल भरून आशिल्ल्यान ह्या यार्डांच्या मालकांक माल उखलपाक तीन दिसांचो वेळ दिला, उपरांत यार्ड सील करतले अशी म्हायती मामलेदार दलाल हांणी दिली.

90

संवसारीक रान जीव दिसा निमतान विद्या प्रबोधिनी महाविद्यालच्या सैमीक क्लबा वरवीं ऑलिव्ह रिडले कांसव सांबाळपाचेर एक चर्चासत्र टेमवाडो - मोरजे हांगा आयोजित केल्लें. हे कार्यावळीचो मुखेल हेत म्हळ्यार दर्यांतल्या जिवीताचें, विशेश म्हळ्यार धोक्यांत आयिल्ल्या ऑलिव्ह रिडले कांसवांचो सांबाळ करून कांसवांच्या गरजे विशीं जागरुकताय निर्माण करप आशिल्लो. गोंय सरकाराच्या रान विभागांतल्या रान जीव आनी पर्यावरण-पर्यटन उत्तर विभाग, मोरजीम मरीन रेंज आनी गोंय राज्य हवामान बदल कक्षच्या सहकार्यान हें चर्चासत्र आयोजीत केल्लें. सुरवेक सैम क्लबाचे समन्वयक डॉ. उध्दव पोळ हांणी हे कार्यावळीचें प्रास्तावीक केलें आनी सगळ्यांक येवकार दिलो. हे कार्यावळीक रान आनी पर्यावरण मळावेले मानेस्त हजर आशिल्ले.

180 एसआरएस वैदिक गणित अकादेमी, मंगेशी ही संस्थ दर वर्स गोंय पावंद्यावेली वैदिक गणित परीक्षा घडोवन हाडटा. , ही संस्था गोंय आनी लागसारच्या राज्यांनी वैदिक गणिताचे गिन्यान पातळावपाचें कार्य करता. शाळेंतल्या विद्यार्थ्यांच्या वैदिक गणिताच्या गिन्यानाची चांचणी करून स्पर्धात्मक परिक्षेंत उत्कृश्ट कामगिरी करपाक मदत करपाच्या हेतान ही परिक्षा आयोजीत करतात. ही परिक्षा हालीच मंगेशीच्या वागले हायस्कुलांत जाली. पुराय गोंयांतल्यान 58 वेगवेगळ्या शाळांतल्यान वट्ट 544 विद्यार्थ्यांनी वांटो घेतलो. वट्ट 39 विद्यार्थ्यांची वैयक्तीक इनामां खातीर आनी पयल्या चार शाळांची निवड शाळा चॅम्पियनशिप पुरस्कारा खातीर जाली.

पाचवी आनी सव्या ह्या गटात विवेकानंद विद्यालयाय, बोरीचो अंश कोसाम्बे, पयलो आयलो .सातवी आनी आठवेंच्या गटात विद्या वृध्दी शाळा, फोंडचो साक्षम पराग नागार्सेकर पयलो आयलो. जाल्यार नववी आनी धावीच्या गटात आल्मेदा हायस्कुल, पोंडचो प्रल्हाद जयंत कावलेकर पयलो आयलो . शाळा चॅम्पियनशिप पुरस्काराचे पयलें इनाम - शारदा मंदिर मीरामार दुसरें इनाम - विवेकानंद विद्यालयाय, बोरी ,तिसरें इनाम - पीपल्स हायस्कुल, पणजी आनीचवथें इनाम - वागले हायस्कुल, मंगेशी हांका फावो जाला.

शेनवार १५ मार्चक मंगेशीच्या वागले हायस्कुलांतल्या इनाम भेटवण  कार्यावळी जातली . सगळ्या जैतीवंतानी ह्या कार्यावळीक हाजीर रावपाची विनंती .एस आर एस वैदिक गणित अकादमी, मंगेशीचे संस्थापक सागर साकोरडेकार हांणी केल्या.

सुशांत 140

मडगाव: मडगावचे वेपारी आनी ज्येश्ठ समाजीक वावुरपी वसंतलाल कांजी सोळंकी हांकां काल सोमारा दुखेस्त मरण आयले. मडगावात दिव्याग विद्यार्थ्यांखातीर सुरु केल्ल्या पयल्या शाळेचे ते संस्थापक आशिल्ले. अायज मंगळारा ताचे कुडीचेर मडगावच्या मसणभुंयेंत निमणे संस्कार जाले. तांच्या फाटल्यान घरकान्न पूत आनी,धूव आसो परिवार आसा. वसंतभाय कांजी ह्या नांवान पुराय मडगावात तांकां वळखताले. ते  गोंयांतल्या गुजराती समाजाचे वरिश्ठ फुडारी आशिल्ले. वेवसायान ते वेपारी आसले तरी तांची प्रवृत्ती समाज सेवेकडेन चड आशिल्ली. जायतीं वर्सां तांणी गुजराती समाजाचे अध्यक्ष म्हूण काम केलें. दिव्याग भुरग्यांक सामान्य शाळांनी शिकतना अडचणी येतात. हें जाणून तांणी गुजराती समाज शिक्षणीक ट्रस्टाची थापणूक केली आनी अशा भुरग्यांखातीर एक खाशेली शाळा स्थापन केली. तांणी आपलें सगळें जीवित हे शाळेक ओंपिल्लें. सुमार 30 वर्सां तांणी हे शाळेंत काम केलें. तांकां श्रद्धांजली ओंपपा खातीर बिरेस्तारा 6 मार्चाक सांजे  5 ते 6 वरां मजगतीं आकेच्या गुजराती समाज शिक्षणीक ट्रस्ट शाळेंत प्रार्थना सभा घडोवन हाडल्या.

आय एमडी 70

पुढले चार दिवस गोयत चडात चड तापमान 36 ते 37 अंश सेल्सिअस मेंरेन  आसपासची शक्यताय पणजी वेधशाळेंन उकतायला. ते खातिर हवामान खात्यात उष्णतायेचं येल्लो अलर्ट जारी केला. फाल्या मेरेन गोयत काय वाठारांनी उष्ण आणि दमट वातावरण आसपाची शक्यताय आसा. पणजीत सर्वाधिक 34.7°C  सेल्सिअस कमाल तापमान नोंद जाला  जाल्यार किमान  23.8°C  सेल्सिअस तापमान मुरगावा नोंद जाला. मात फाटल्या कांय दिसां सावन सकाळच्या वेळार गांवांनी तशेंच शारांनूय धुकें पातळिल्लें पळोवपाक मेळटा.

सकाळच्या वेळार पडपी धुकें आनी दंवाक लागून आंबो, काजू पिकांचेर परिणाम जावपाची शक्यताय बागायदारांनी उक्तायल्या. धुकें आनी दंव असोच पडत रावल्यार फळांचेर दाग पडपाचो भंय बागायतदारांनी उक्तायला.

इतल्यान हयो प्रादेशिक खबरो सोपल्या आकाशवाणी पणजीचे  मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी सात जावण 25 मिंनटाचेर नमस्कार